गोंय सरकार
म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें
पणजी गोंय
सरकारी पत्रक

डेंगे दुर्येसाआड भलायकी सेवा खात्याचे उपाय

ता. 20 सप्टेंबर 2019

राज्यांत डेंगे दुर्येस पातळचें न्हय म्हुण भलायकी सेवा संचालनालयान "जळारांपासून जावपी दुर्येसांचेर नियंत्रण" ह्या राष्ट्रीय कार्यक्रमाखाला प्रतिबंधात्मक उपाय सुरू केल्यात.सगळीं मुळावीं भलायकी केंद्रां, सामाजीक आनी नागरी भलायकी केंद्रांचे कर्मचारी जळारांची पैदास जावपी जाग्यांची पळोवणी करतात आनी रोखड्या रोखडे उपाय करतात. डेंगे दुर्येस पातळपाचो दुबाव आशिल्ल्या वाठारांनी जळारांक मारपाच्या स्प्रेची फवारणी करप आनी नेमान फॉगिंग करपाचे उपाय करतात.
गोंयच्या वेगवेगळ्यां वाठारांतल्या शाळा प्रकल्पांनी नेमान धुंवराचो फवारो मारतात.भलायकी सेवा संचालनालयान थळाव्यो संस्थां, पंचायत आनी नगरपालिकांक आपल्या वाठारांत जळारांची पैदास जावपी जाग्यांची पळोवणी करून आवश्यक प्रतिबंधात्मक उपाय करपाक सांगलां. जळारांची पैदास ही उदकाच्या कोंडानीं जाता आनी ते खातीर उदकाची कोंडा जावपाक दिवची न्हय. डेंगे दुर्येसाचेर नियंत्रण दवरपा खातीर रोखड्या रोखडे उपाय करपाची गरज आसा. खंयच्याय मनशाक डेंगे दुर्येसाच्या लक्षणांचो दुबाव आसल्यार लागीच्या भलायकी केंद्रार वचून तपासणी करची.

म्हा /सप/ एमएस/ जॉआ/ विगां/ 2019/603

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA